आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :23/08 /2025 7.20 p m

मुखेल खबरो

गोंय सरकारान म्हजे घर ह्या येवजणेखाला घरा कायदेशीर करपाची प्रक्रियेची भेट आयज गोंयकारांक दिल्या. घरा कायदेशीर करपाच्य प्रक्रियेत कोणेच आडमेळी वा राजकारण हाडचे न्ही, अशे आवाहन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला.

विद्यार्थ्यांचें येस परिक्षेच्या निकालाचेर न्हय तर तांचे कश्ट करपाचे तयारेचेर, वकिली मळार आशिल्ली निश्ठा आनी समर्पणाचेर आदारून आसता अशें सरन्यायाधीश भूषण गवई हांणी सांगलें.

सहकार खात्यान आयजसावन 25 ऑगस्ट मेरेन फोंड्यात मांडील्या चतुर्थी बाजाराचे उक्तावण कशी मंत्री रवी नायक आनी सहकार मंत्री सुभाष शिरोद्कार हांचे हस्तूकी जाले

टपाल खात्यान 25 ऑगस्टा सावन अमेरिकेंत धाडपा आशिल्या सगळीं

टपाल वस्तू तात्पुरतीं स्थगीत करपाचो निर्णय घेतला.

RASHMI 230

चवथीच्या दोन दिसा पयली म्हजे घर ह्या येवजणेची म्हायती दियत मुळ गोंयकारांची ह्या ना त्या कारणास्तव बेकायदेशीर उरील्ली घरा कायदेशीर करपाची प्रक्रियेची गोड भेट गोंय सरकारान आयज गोंयकारांक दिल्या. घर हे फकत चार भिंती न्ही , जाल्यार ते त्या घरान रावपी मनशांचे आस्थेचो,तशेंच पिढयान पिढयांच्यो यादी आशिल्ली मायेची वास्तु हे मतीत घेवन सरकारान म्हजे घर ही येवजण चालीक लायल्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावत हांणी म्हणला. घरा कायदेशीर करपाच्य प्रक्रियेत कोणेच आडमेळी वा राजकारण हाडचे न्ही, ही गोंयकारांची घरा, सगल्यानी घरा कायदेशीर करपाच्य ह्या प्रक्रियेक तेको दिवचो शे आवाहन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. जाल्यार घरा कायदेशीर करपाचे अर्ज 15 संप्टेबरासांवन उपलब्ध जातले, सुवातीचे, तशेचं घर नियमित करपाविंशीचे शुल्क बेगीनुच सरकार जाहिर करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज ऑनलायन माध्यमातल्यान थेट प्रक्षेपणावरवी सादिल्लया संभाशणातल्यान गोंयकारांक दिला.

सरकारी, कम्युनिदाद सुवातीनी आशिल्ली घरां,20 पोईंन्ट प्रोग्रामावरवी बांदील्ला घरा,खासजी सुवातीनी किचकट कागदोपत्री प्रक्रियेखातीर कायदेशीर जावपाची अडकुन उरील्ली घरा,तशेंच स्थलांतरीक केल्लया मनशांक सरकारन दिल्ले गाळयाचे हक्क थेट त्या गाळयात रावपी मनशांक मालकी हक्क दिवपाची तजवीज म्हजे घर ह्या येवजणेवरवी दिवपाची प्रक्रिया सरकारान केल्या.म्हजे घर येवजणेची प्रक्रिया सुटसुटीत दवरल्या, विकसित भारता सयत, विकसित गोंय आनी happiness index वाडील्ले विकसित आनी समृध्द गोंय करपाच्या हेतान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

ह्यावेळार महसुल खात्याचे सचिव संदिप जॅकीस, जोड सचिव सुरेंद्र नायक, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक विजय सक्सेना प्रत्यक्ष हाजीर आशिल्ले. जाल्यार ऑनलायन माध्यमातल्यान पंचायत, नगरपालिका प्रशासन, नगरसेवक, सरपंच, पंच, स्वंयपुर्ण मित्र, तशेच व्हडा आकड्यान गोंयकारांनी हे संभाशण आयकले.

Desk 170

विद्यार्थ्यांचें येस परिक्षेच्या निकालाचेर न्हय तर तांचे कश्टचेर  आदारून आसता अशें सरन्यायाधीश भूषण गवई हांणी सांगलें. आयज व्ही.एम. साळगांवकार लॉ कॉलेजींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश आलोक आराधे, न्यायाधीश भारती डांगरे, न्यायाधीश महेश सोनक आनी संस्थेचे अध्यक्ष दत्तराज साळगांवकार हाजीर आशिल्ले. मेरिट लिस्टांतले गूण तुमचें येस थारयना तर  तुमी कितले कश्ट करतात, कितले बरें काम करतात आनी त्या- त्या थारावीक मळार कितले बांदिल आसात हाचेर तुमचें येस थारता. कायदो शिक्षणाचे प्रक्रियेंत व्हड बदल जाला. नव्या विद्यार्थ्यांनी हाचो फायदो घेवचो अशें तांणी सांगलें.

साळगांवकार घराण्यान अशें म्हाविद्यालय सुरू करून थळाव्या विद्यार्थ्यांक शिक्षण घेवपाची संद दिली. ह्या म्हाविद्यालयांतले आदले विद्यार्थी आयज न्यायाधीश, वरिश्ठ वकील, सरकारी वकील म्हणून काम करतात. आयज हाजीर आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांकय कश्ट करून त्या जाग्यार पावपाची संद मेळटा. समाजांतल्यान कितेंय घेवन येस मेळटा तेन्ना समाजाक परतून मजत करप गरजेचें आसता अशें तांणी मुखार सांगलें.

सहकार खात्यान आयजसावन 25 ऑगस्ट मेरेन फोंड्यात मांडील्या चतुर्थी बाजाराचे उक्तावण कशी मंत्री रवी नायक आनी सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांचे हस्तूकी जाले. हो चतुर्थी बाजार फोंडेच्या पोरन्या बस

स्टँडावेल्या श्री झरेश्वर भौशिक गणेशोत्सव मंडळ सुवातेर भरला

‘. हो चतुर्थी बाजार बचत गटांक आपलीं उत्पादनां एकाच पाख्या खाला प्रदर्शित करपाची आनी उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवन एकामेकांकडे वळख करपाची आनी एकामेकां कडेन संवाद सादून आपल्या वेवसायीक उपक्रमांचो प्रचार करपाची संद दितली. SHGक तांचें उत्पादन प्रदर्शित

करपाक सुवात दितले आनी सहकार कायद्या खाला नोंदणी

केल्ल्या आनी नोंदणी करपाची इत्सा आशिल्ल्या सगळया

गटांक व्यापक प्रसिध्दी दिली . ह्या बाजारांत सहकार कायद्या

खाला सगल्या SHGक वांटो घेतला .

.भारतिय टपाल खात्यान 25 ऑगस्टा सावन अमेरिकेंत धाडपा आशिल्या सगळीं टपाल वस्तू तात्पुरतीं स्थगीत करपाचो निर्णय घेतला. अमेरिका सरकारान जारी केल्ल्या आदेशा प्रमाण हो निर्णय घेतला. टपाल खातें सगळ्या भागधारकां वांगडा समन्वयान विकसीत जावपी परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरता आनी सेवा बेगीन सामान्य करपाखातीर सगळे यत्न करता. हे परिस्थितीक लागून अमेरिकेंत धाडूंक मेळनात अशीं पयलींच बुक केल्या गिरायकांक टपाल खर्च परत मेळपाचो दावो करूं येता. गिरायकांक जाल्ल्या असुविधाये खातीर टपाल खातें खत ल्या .

चावडी काणकोणच्या श्री बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन चालीक लायील्ल्या श्रमधाम उपक्रमावरवी ३० गरजू मनशांक चवथीपयली स्वतचो हक्काचो निवारो दिवपाची कार्यावळ आयज पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली.ह्या कार्यावळी दरम्यान 30 गरजु लाबार्थ्यांक श्रमधाम उपक्रमावरवी बांदुन तयार आशील्ली ह्या 30 घरांच्यो चावयो लाभार्थ्यांक दील्यो.

श्रमधाम हो उपक्रम गांवचे गांवपण मनीसपणाच्या बळग्यार साकारलेलो संकल्प अशे मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला. सुशिक्षित जालो आनी स्वतची उदरगताजाली चाय मनशान आपल्यापुरतेच जगपापरस गरजु घटकांक आधार दीवपाची भावना जिवंत दवरपाची गरज आसा आनी ताचे भान अशे मत ह्यावेळार मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला.

मनस्थीती बदलल्यार परीस्थीती बदलता ,आनी नेमकी हीच भावना घेंवनजण एकल्यान समाजान जवाबदारीन वागपाची गरज आसा अशे मत ह्या कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आशील्ले केंद्रीय आदीवासी कल्याण राज्य मंत्री दुर्गादास युके हांणी म्हणला.

हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण फुडले दोन दिसात गोंय राज्यातल्या चडशा सुवातींनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा तशेच वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला . मजगती फाटल्या २४ वरात पेर्नेम-14.8 धारबांदोरा-9.3, पोंडा -9, दाबोलीम-8.2, एला (पोरनें गोंय)-7,

मापुसा 6.4, वालपोई-5.5, पणजी-3.6, सांकेलीम-3.6, मार्गाओ-3.1, मोर्मुगांव-2.6 मिलीमीटर पावसाची नोंद जाल्या.

पणजेंत चडांत चड तापमान३१.०० अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२5 अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २5 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या

२०

गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ल्या बास्केटबॉल सर्तीत बायलांच्या गटात डॉन बॉस्को कॉलेज, पणजे जाल्यार दादल्यांच्या गटात सेंट झेवियर्स कॉलेज मापुसा हाणी वस्ताद्पण जिंखले

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या

नमस्कार